**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लाकांक स्वातंत्र्य दिसानिमतान परबीं**

ता. 15 ऑगस्ट 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, भारतीय स्वातंत्रतायेच्या 74 व्या वर्धापन दिसाच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. ह्या दिसा आमी राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांच्या उत्तुंग फुडारपणाखाला देशाच्या स्वातंत्र्याखातीर झुजलेल्या सगळ्यां म्हान दादले आनी बायलांचो कृतज्ञतायेन उगडास करतात. आयज आमी भारत देशाक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपाखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळ्यां पराक्रमी आत्म्यांक नमन करतात.

आयचो हो दीस एक इतिहासीक प्रसंग आसा, भारत देश स्वतंत्रतायेच्या 75 व्या वर्सात पावल दवरता, जाका आमी "आजादी का अमृत महोत्सव" म्हणला. ह्या म्हत्वाच्या घडणूकेच्या महोत्सवाक ह्या वर्सा दबाज्यान सुरूवात जातली.

फाटले एक वर्स कोवीड-19 म्हामारीच्या संकटाच्या परिस्थितीत गेले. भारतान ह्या म्हामारीच्या पयल्या ल्हारा वेळार यशस्वीपणान आनी धिटायेन लढो दिलो आनी म्हामारीचो प्रसार आनी मरणाचे प्रमाण कमी केले. पुण, दुसऱ्या ल्हारांत अनेकांक कोवीडाची लागण जाली आनी अनेकांचे जीव गेले. मरण आयिल्ल्याप्रती दुख्ख जाता आसतनाच धिटायेची गजाल म्हळ्यार आमच्या घट काळजाच्या दोतोरांनी आनी पॅरामॅडिकल कर्मचाऱ्यांनी तशेंच कोरोना वॉरियर्सांनी करोडांनी लोकांचो जीव वाचयलो. अभिमानाची गजाल म्हळ्यार भारताक अल्प काळाच्या णव म्हयन्यांभितर कोवीडाआड देशी वासीन विकसीत करपाक आनी संवसारातली सगळ्यांत व्हड वासिनीकरण मोहिम सूरू करप शक्य जाले आनी ही मोहिम देशभरांत यशस्वीपणान चालू आसा. देशांतल्या 50 कोटी परस चड लोकांक वासीन दिला आनी ताका लागून दुसऱ्या ल्हाराच्या गंभीरतायेचेर नियंत्रण दवरपाक मदत जाली. राष्ट्रीय अर्थवेवस्था परत रूळार आयल्या आनी वाडिचो दर कोवीडा पयलीच्या पांवड्यार येवपाक लागला.

युवा आनी धडाडिचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या कुशळ फुडारपणाखाला राज्य सरकारान गोंयांत कोवीड म्हामारीची परिस्थिती बरें तरेंन हाताळली. कोवीड म्हामारीआड लढो दिवपाक अथक परिश्रम केल्ल्या सगळ्यां भलायकी कर्मचाऱ्यांचे आनी फ्रंटलायन वॉरियरसांची हांव तोखणाय करता. संसर्गाक आळाबंद घालपाखातीर आदार आनी सहकार्य केल्लेखातीर हांव गोंयच्या लोकांचीय तोखणाय करता. गोंयांत वासिनीकरण कार्यक्रम बरें तरेन चालू आसा आनी लागी लागी 80 टक्के पात्र लोकसंख्येन वासीनाचो एक तरी डोस घेतला. वासीन घेतल्या उपरांत लेगीत लोकांनी मास्क घालप, समाजीक अंतर पाळप आनी नितळसाण राखपाची सवय लावन घेतल्या, हे खऱ्यानीच म्हत्वाचे आसा. कोवीड म्हामारीच्या काळांत मानादीक प्रधानमंत्र्यानी आत्मनिर्भर भारताखातीर मारिल्ल्या कळकळीच्या उल्याक मान दिवन गोंयान "स्वयंपुर्ण गोंय" मोहिम सुरू केल्या. ह्या अभियानाखाला कमी सरकार आनी चड प्रशासन ह्या मुद्द्याचेर भर दिवन सरकार आनी लोकांमदी दुवो सादपाखातीर सरकारी कर्मचाऱ्यांक स्वयंपुर्ण मित्र म्हुण नेमल्यात. एकदा म्हामारी कमी जाली की खास करून पर्यटन आनी खण उद्देग परतून सुरू करपाक राज्य सरकार उत्सूक आसा आनी त्या दिकेन आवश्यक पावलां उबारता.

लोकांच्यो सामाजीक-आर्थिक अपेक्षां पुर्ण करपा खातीर गोंय फाटल्या 60 वर्सां सावन नेटान पावलां

मारता. नागरिकांच्या कल्याणाखातीर सरकारान अनेक धोरणां आनी येवजणांची अंमलबजावणी केल्या. लोकांची जीण समृध्द करपाखातीर कैंद्र आनी राज्य सरकाराच्या साबार येवजणांची अंमलबजावणी केल्या. गोंयान आता 60 वो मुक्ती दीस मनोवपाक सुरूवात केल्या. राज्य सरकारान ह्या इतिहासीक घडणूकेचो दीस दबाज्यान मनोवपाचो निर्णय घेतला. गोंय मुक्तीच्या 60 व्या वर्स सुवाळ्याच्या कार्यक्रमांतल्यान राज्याच्या कला-संस्कृतीचेर आनी राज्यान फाटल्या स दशकांच्या काळांत केल्ल्या प्रगतीचेर उजवाड घालपात येतलो.

रस्ते, रेल्वे, विमानतळ आनी पुलांच्या रूपान पायाभूत साधनसुविधां निर्माण करून सरकारान राज्याच्या विकासाखातीर उमेदीन वावर केला. फाटल्या एका वर्सात दाबोळी विमानतळ वाठारांत ग्रीड सॅपरेटर, मांडवी न्हंयत उफेवपी जेटी आनी पर्वरे म्हत्वकांक्षी उच्च न्यायालय इमारत प्रकल्प पुर्ण करून सुरू केला. त्याशिवाय उदका पुरवणेचो विस्तार आनी घाणयाऱ्या उदकाचेर प्रक्रिया करपा खातीर जपान इंटरनॅशनल कॉर्पोरेशन एजन्सीखाला अनेक म्हत्वाचे प्रकल्प पुर्ण करून चालू केल्यात. नवो म्हत्वकांक्षी 8 पदरी जुवारी पूल पुर्ण जावपाच्या मार्गार आसा. पुलाची पयली लेन डिसेंबर 2021 त उकती करपाचे थारायला. मोपा हांगाच्या नव्या आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचे बांदकाम नेटान चालू आसा. मोपा विमानतळ डिसेंबर 2022 मेरेन पुर्ण जावपाची अपेक्षा आसा. इतिहासीक आग्वाद बंदखणीचे रूपांतर वारसा वस्तुसंग्रहालयांत केला आनी ताचें उक्तावण मानादीक प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं रोखडेच जावपाचे आसा.

देशांतल्या विकसीत राज्यांमदी आयज गोंयची गणटी जाता हाचोो आमकां अभिमान जाता. गोंयचे मनशा कणकणीचें उत्पन्न चड आसा, ही समाधानाची गजाल आसा. गोंयच्या समान नागरी कायद्याची न्हय फकत भारताच्या राष्ट्रपतीन, जाल्यार भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले मुख्य न्यायाधिश मानादीक एस. ए. बोबडे हांणीय तुस्त केल्या.

गोंय आपल्या सैमिक सोबीतकाय, समृध्द जीवसृश्ट आनी संस्कृतीखातीर फामाद आसा. गोंयची सोबीतकाय संवसारभरांतल्या असंख्य पर्यटकांक आकर्शीत करता. गोंयच्या प्रगतीचे आनी भरभराटीचे स्रय राज्यांतल्या शांतीकायेच्या आनी सलोख्याच्या परंपरेक फावता. गोंयच्या लोकांक तांच्या सरबराय आनी सामाजीक इश्टागती खातीर वळखतात. सरकार आपले नागरीक आनी पर्यटकांची सुरक्षा आनी सुगूर वातावरणाखातीर कटीबद्द आसा. राज्यांत विकासाची कामां करतनाच आमी आमची रानां आनी पर्यावरणाचो सांबाळ करपाचीय गरज आसा.

जाणी आमकां आमचे स्वातंत्र्य दिले, त्या सगळ्यां हुतात्म्यांक आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक हांव परत एकदा नमन करता आनी गोंयच्या लोकांक गोंय एक उत्कृश्ट राज्य करपा खातीर पुर्नसमर्पित जावपाचो आनी भांगराळ्या गोंयचे सपन पुर्ण करपा खातीर काळजाथावन वावर करपाचो सोपूत घेवपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/688

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji